**अन्न सुरक्षा मित्र नोंदणीखातीर ऑनलायन प्रशिक्षण कार्यक्रम**

ता. 22 एप्रिल 2021

अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयान गोंय राज्यांत डिजिटल मित्र येवजणेक प्रोत्साहन दिवन अन्न वेवसायिकांक तांचो परवानो, नोंदणी प्रशिक्षण, ऑडिटींग, नितळसाण आनी हेर बाबतीत मदत करपा खातीर अन्न सुरक्षा मित्र येवजण सूरू केल्या. वेवसायिक आनी आयटी कुशळटाय आशिल्ले डिजिटल मित्र अन्न वेवसायिकांक परवान्याखातीर नवीन अर्ज करप आना नोंदणी, संबंदीत अधिकारीणीन उपस्थित केल्ल्या प्रस्नांक ऑनलायन पत्रवेव्हारातल्या जापो दिवप, अर्जातली दुरूस्ती, वर्सूकी रिटर्न भरप आनी हेर कामाखातीर मदत करतले.

प्रमाणिकरण आनी नोंदणीकरणाखातीर ता. 7 मे 2021 दिसा ऑनलायन प्रशिक्षण कार्यक्रम आयोजीत करपात येतलो. आवश्यक कुशळटाय आशिल्ल्या उमेदवारांनी
संचालनालयाच्या http://attendee.gotowebinar.com/register/32765860770583568. ह्या वेबसायटीचेर नोंदणी करची. नोंदणी शुल्क म्हूण 500/- रूपया फारीक करपाक जाय आनी प्रशिक्षण दिसा पयली नोंदणी करपाक जाय. प्रशिक्षण सक्तिचे आसून अन्न सुरक्षा डिजिटल मित्र म्हूण भरती जावपाखातीर उमेदवारान मुल्यांकन चाचणी पास जावपाची गरज आसा. परिक्षा यशस्वीरित्या पुर्ण केले उपरांत ह्या पोर्टलामार्फत 5000/- रूपया जमा करपाक जाय, जे अन्न सुरक्षा डिजिटल मित्र जेन्ना ही नोंदणी परत करपाचो निर्णय घेतले तेन्ना परते दितले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/438

--

Issued by Department of Information & Publicity